**<u>सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देग येवजणेच्या अंमलबजावणी खातीर मंजुरी समिती</u>**

ता. 18 सप्टेंबर 2020

केंद्रीय अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयाच्या "सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देगांच्या केंद्राभिमुखीकरणा खातीर येवजण" ह्या येवजणेची राज्यांत अंमलबजावणी करपा खातीर सरकारान राज्य मंजुरी समिती नेमल्या. मुख्य सचीवाच्या अध्यक्षतेखाला नेमिल्ल्या समितीचेर अर्थ सचीव, कृषी सचीव, नुस्तेमारी सचीव, गोरवां सांबाळ सचीव, एमएसएमई सचीव, कुशळटाय विकास सचीव, राज्य ग्रामीण उपजिवीका मिशन संचालक, राज्य तांत्रिकी संस्थांचे प्रतिनिधी, नाबार्डा, एनएसडीसी, एसएलबीसी, एनसीडीसी चे प्रतिनिधी, चार्टड अकाऊटंट हे वांगडी जाल्यार उद्देग खात्याचे नोडल अधिकारी वांगडी सचीव आसात.

प्रकल्प सर्वेक्षण, अभ्यास, राज्य आनी जिल्हा पातळीवयले अधिकाऱ्यांखातीर क्षमतावाड कार्यक्रम, राज्य पातळीवयली यंत्रणां, उद्देजकां खातीर प्रशिक्षण आनी कुशळटाय विकास कार्यक्रम, राज्य संस्थांची कार्यक्षमता वाडोवप, अनुदान मंजुरी, सुविधांची पुरवण, मार्केटिंग, ब्रॅण्डिंग, भांडवल अशा प्रस्तावांक मंजुरी दिवपाची जबाबदारी ह्या समितीची आसतली. ह्या समितीक 10 लाख खर्चा मेरेनच्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाचे अधिकार आसतले.

वयल्या मंजुरी खेरीज समिती ह्या येवजणे खातीर मोख थारायतली आनी येवजणेच्या प्रगतीचेर देखरेख दवरतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/475

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA